## राष्ट्रीय खबरो

**25.06.2025 @ 8.40 am**

**मुखेल खबरो**

1 आज संविधान हत्या दिस पाळतात. सरकारान फाटल्या वर्सा २५ जून संविधान हत्या दिस म्हणून घोषित केल्लो

2 देशाच्या सुरक्षेचे रक्षण करप म्हण न्हय तर सत्ता वाचोवप हे ताचे कारण आशिल्ले अशी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी १९७५ वर्सा आणीबाणी लादिल्या खातीर काँग्रेसीचेर टीका केल्या.

3 नीरज चोपडान चेक रिपब्लीकांत जाल्या ओस्ट्रावा गोल्डन स्पायक 2025 सर्तींत भालाफेक सरत जिखल्या

5 कोंकण, गोंय, आनी हेर राज्यांनी आयज व्हड ते खूब दडकांनी पावस पडपाचो अदमास भारतिय हवामान खात्यान उक्तायला

**संविधान 140**

आज संविधान हत्या दिस पाळतात. २५ जून १९७५ वर्सा भारतीय संविधान पायामुळान मस्तील्ले तेन्ना किते घडले याची याद करून दिवपी हो दिस. भारतीय इतिहासातलो सगळ्यात काळ्या पावंड्यार आणीबाणीच्या अतिरेकांन पीडित जाल्या प्रत्येक व्यक्तीक श्रद्धांजली ओपपाचो हो दिस . १९७५ च्या आणीबाणीच्या अमानवी वेदना सहन करपी सगळ्याच्या प्रचंड योगदानाचे स्मरण करपाक हो दिस पाळतात आकाशवाणीच्या प्रतिनिधीन दिल्या खबरे प्रमाण आणीबाणीच्या काळात सत्तेच्या गैरवापराक बळी पडील्या आणि त्या आड लडपी सगळ्यांक श्रद्धांजली ओपपाक आणि फुडारात कसल्याच तरेन सत्तेच्या गैरवापराक तेंको न दिवपाची प्रतिज्ञा घेवपाक सरकारान फाटल्या वर्सा २५ जून संविधान हत्या दिस म्हणून घोषित केल्लो . २५ जून १९७५ वर्सा हुकूमशाही मानसिकतेचे प्रदर्शन करून, तत्कालीन इंदिरा गांधी सरकारान १८ महिन्या खातीर देशात आणीबाणी लादिल्ली.

लाखांनी लोकांक त्यांच्या स्वतःच्या चुकीशिवाय कादयेत उडयल्ले आणि माध्यमांचो आवाज दाबिल्लो. दमनकारी सरकारच्या अकल्पनीय छळाक तोंड दिवनुय लोकशाही पुनरुज्जीवित करपाक संघर्ष करपी लाखांनी लोकांच्या आत्म्याचो सन्मान करपाक संविधान दिसाचो हेतू आसा byte pm

शाह 140

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी १९७५ वर्साआणीबाणी लादिल्या खातीर काँग्रेसीचेर टीका केली आणि म्हणले की, देशाच्या सुरक्षेचे रक्षण करप म्हण न्हय तर तत्कालीन प्रधान मंत्री इंदिरा गांधी हांची सत्ता वाचोवप हे ताचे कारण आशिल्ले. नवी दिल्लीत 'आपतकाल के ५० साल' या स्मृतिदिन कार्यक्रमात उलयताना शहा हाणी म्हणले की या देशाच्या लोकशाही खातीर लढपाक लाखांनी लोकांनी आपले प्राण, करिअर आणि कुटुंबाचे बलिदान दिले हे सगळ्यांक लक्षात दवरपाचे आवाहन केले. देशान ही लढाय जिंकली कारण जनता केन्नाच हुकूमशाही सहन करची ना अशे . शहा यांनी नमूद केले. या देशातल्या लोकांक फक्त स्वतंत्र जावपाच्या विचारान कादयेत घाले अशे ते उलयले.प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी हाणी ताचेर एक पुस्तक बरयलाआणि ते आज प्रकाशित करतले. हे पुस्तक आणीबाणी वेळार आणि उपरांत जाल्या संघर्षांचेर आणि घडामोडींचेर आधारित आसा. आणीबाणीच्या काळात लोकशाहीक कमकुवत करपी काँग्रेस पक्ष असो आरोप करत खुपशे विरोधी पक्ष काँग्रेसीच्या वटेन उभे आसात काय असो प्रश्नय ताणी विचारलो

पीएम 100

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणले की, ऑपरेशन सिंदूरान भारताच्या

दहशतवादा आड शून्य-सहिष्णुता धोरणाबद्दल जागतिक स्तरार एक घटमुट संदेश दिला. ताणी म्हणले की, भारतीय नागरिकांक लुकसाण

करपी खंयचीच सुवात सुरक्षित ना हे भारताने स्पष्ट केला. देशाचे संरक्षण निर्णय आता राष्ट्रीय हिताखातीर योग्य आणि आवश्यक शिल्या गोष्टींचेर

आधारित आसात. भारताच्या दोन महान आध्यात्मिक आणि नैतिक फुडारी - श्री नारायण गुरु आणि महात्मा गांधी हांचे मदले इतिहासिक संभाषणाच्या शताब्दी समारंभात उलयताना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले की आयज लेगीत शंबर वर्सां आदीं जाल्ली ही बसका समाजीक समरसताये खातीर आनी विकसीत भारताच्या मुहीक ध्येया खातीर आनी सबका साथ सबका विकासाक प्रेरणा दिवपी स्त्रोत म्हूण काम करता. Byte सबका 34

गोयल 75

संवसारीक अस्थिरताय आसून लेगीत भारत 2027 मेरेन 5 ट्रिलियन अमेरिकन डॉलर्सची अर्थवेवस्था जावपाचे वाटेर आसा आनी हें सगळें सामुहीक राश्ट्रीय यत्नांक लागून जालां अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी म्हणला.काल मर्चंट्स चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री आयोजीत केल्ल्या आभासी अधिवेशनांत उलयतना मंत्री गोयल हांणी सांगलें की सेवा, सुशासन आनी नवनिर्माणाचेर आदारीत मापांकीत वाडीचेर सरकाराचें लक्ष आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला सरकार फकत वाडपी प्रगती परस क्वांटम बदलाचेर लक्ष केंद्रीत करता अशें गोयल हांणी सांगलें.

जयशंकर 120

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणला की, सेवा, सुशासन आणि गरीब कल्याण हे शासनाचे तीन प्रमुख स्तंभ आसात जे विकसित भारताकडे व्हरतले. १३ व्या पासपोर्ट सेवा दिसानिमित्त दिल्या संदेशात, डॉ. जयशंकर हाणी देशातल्या सार्वजनिक सेवा वितरणात, खासा करून पासपोर्ट जारी करपाच्या प्रणालीत लक्षणीय सुधारणा जाल्याचे अधोरेखित केले. मंत्र्यांनी माहिती दिली की पासपोर्ट सेवा कार्यक्रम आवृत्ती २.० देशभरात सुरू केला जी प्रगत, उच्च दर्जाच्या उदयोन्मुख तंत्रज्ञानाचा वापर करतली. ताणी म्हणले की, जागतिक पासपोर्ट सेवा कार्यक्रम आवृत्ती २.० ची पायलट चाचणी सध्या प्रगतीपथार आसा आणि सगळे भारतीय

दूतावास आणि वाणिज्य दूतावासांत टप्प्या टप्प्यान सुरू करतले. डॉ. जयशंकर हाणी माहिती दिली की पासपोर्ट पोलिस एप लाँच केल्यान २५ राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांम दी पोलिस पडताळणीचो वेळ ५ ते ७ दिसां मेरेन कमी जाल्या

नीरज 50

एथलेटिक्सांत दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी नीरज चोपडान चेक रिपब्लीकांत जाल्या ओस्ट्रावा गोल्डन स्पायक 2025 सर्तींत भालाफेक सरत जिखला. एका दिसाच्या सर्तींत काल रातीं 27 वर्सां पिरायेच्या ह्या भारतीय खेळगड्यान 85.29 मीटरच्या सर्वोत्तम भालाफेक करून भांगरा पदक जिखले. दक्षिण आफ्रिकेचो डौ स्मिट 84.12 मीटरच्या भालाफेकी सयत दुसरो जाल्यार ग्रॅनाडाचो अँडरसनान पीटर्स 83.63 मीटरच्या भालाफेक करून तिसरो क्रमांक मेळयलो.

हॉकी 110

हॉकींत पयलो इंडिया मास्टर्स कप 2025 उपांत्य फेरयें मेरेन पावला, दादले आनी बायलां ह्या दोनूय विभागांनी रोमांचक मॅची जावपाची आसा. दादल्यांच्या विभागांत आयज तमिळनाडू आनी चंडीगढ, जाल्यार आयज ओडिशा महाराष्ट्रा आड खेळटलो. बायलांच्या मळार तमिळनाडू आनी ओडिशा, जाल्यार हॉकी हरियाणा आनी पंजाब हांचे मदीं फाल्यां खेळ जातलो.क्वार्टर फायनलींत दमदार कामगिरी केल्या उपरांत तमिळनाडू, ओडिशा, हरियाणा आनी पंजाब बायलांच्या विभागांत उपांत्य फेरयेत पावली. तमिळनाडून कर्नाटकाक 3-1 अशी मात केली, जाल्यार ओडिशान केरळाक 10-0 असो पराभव केलो, ताका लागून सरिता लक्राच्या पांच गॉलांक आनी मिंज सरिता रोशनाच्या हॅट्रीकाक लागून. हरियाणान हिमाचलाक 8-0 आनी पंजाबान महाराष्ट्राक 13-0 असो पराभव केलो.

दादल्यांच्या विभागांत महाराष्ट्रान कर्नाटकाचेर 2-1 अशी हार घाली जाल्यार चंडीगढान 2-2 अशा बरोबरी उपरांत शूटआउटांत हरियाणाक हारयले .

**IMD 85**

**दर्यादेग कर्नाटक, गुजरात, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लडाख, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा, पंजाब, उत्तराखंड आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात आयज व्हड ते खूब दडकांनी पावस पडपाचो अदमास भारतिय हवामान खात्यान उक्तायला. हवामान खात्यान फुडल्या 5 दिसांत गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, मध्य प्रदेश, विदर्भात हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास काडला. भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या 5 दिसांत देशाच्या ईशान्य आनी वायव्य भागांत तशेंच छत्तीसगड, गंगेय अस्तंत बंगाल, बिहार, झारखंड, ओडिशा हांगाय हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.**